**Panaji 16th November 2025 7.25am**

**इफ्फी**

आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव (इफ्फी) 2025 गोंयांतल्या पांच मुखेल सुवातींनी 20 -28 नोव्हेंबर जातलो, तातूंत मिरामार आनी हेर दर्यादेगांचेर उक्तावण प्रदर्शन जातलें. Convergence of creativity and technology, ह्या महोत्सवाचो विशय . 17 नोंदींतल्यान वेंचून काडिल्ले दोन गोंयचे चित्रपट - क्लाउडिया आनी द पायलट - दाखयतले. 20 नोव्हेंबराक इफ्फी फ्लोट परेड करून महोत्सव सुरू जाता, तातूंत गोंयचे सांस्कृतीक पंगड आनी उद्देगीक फ्लोट हांचो आस्पाव जाता. प्रतिनिधीं खातीर फुकट येरादारी, भौशीक संलग्नताय स्टॉल, आनी वेगवेगळे सांस्कृतीक कार्यावळी पुराय कार्यावळींत नियोजीत आसात.इफ्फीची ही आवृत्ती तरणाटे निर्माते, एआय आनी बायलां सशक्तीकरण केंद्रीत आसतली: डॉ

ह्या महोत्सवांत ८० परस चड देशांतले सोयरे आनी सिनेमा निर्माते आनी भारत आनी परदेशांतले २७० + सिनेमा एकठांय येतले.

---------------------------------------------

**श्रीपाद नायक**

उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक हांणी काल खासदार निधीतल्यान 6 दिव्यांग व्यक्तींक मोटरसायकल तशेंच एका दीव्यांग व्यक्तीक electric chair दील्या.हे खातीर 7 लाख 57 हजार रूपया एकुण खर्च केला अशी म्हायती खासदार श्रीपाद नायक हांणी दील्या. आता मेरेन 3 टप्प्यान प्रत्यकी 6 अशा पद्धतीन मोटरसायकली दील्यात . हे शिवाय शाळांच्या IT lab क लागपी कम्पुयटर, प्रिंटर,शाळांक विद्यार्थ्यांच्या येरादारीखातीर लागपी बस दील्या, अशी म्हायती ह्यावेळार खासदार श्रीपाद नायक हांणी दील्या. Byte :shripad Naik

---------------------------------------------

**मुख्यमंत्री**

येता त्या काळात गोंयाक पुराय नदरेतल्यान एक आदर्श राज्य करपाखातीर  सरकार कटीबद्ध आसा अशें मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. हरवळे साखळी हांगसर श्री रुद्रेश्वर देवस्थान तशेच हरवळे धबधबो आनी सरभोवतणच्या वाटाराच्या सोबीतीकरण कामाच्या बुनीयादी फातर बसोवपाच्या सुवाळ्यात मुखेलमंत्री उलयताले.  आत्मनिर्भर भारत आनी स्वयंपूर्ण  गोंयचे सुंदर  सपन पुराय करपाखातीर  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या मार्गदर्शनाखाला गोंय सरकार काम करीत आसा. हरवळें गावात सोबीतीकरण करपाखातीर  सरकार प्रयत्न करीत आसा. हरवळे रुद्रेश्वर देवस्थान परिसराचे सोबीतीकरण जाले उप्रांत पर्यावरण ,रोजगार आर्थिक, सामाजिक ,नजरेतून गावाचो विकास जातलो, अशे तांणी मुखार सांगले. ह्यावेळार  केंद्रीय मंत्री तशेच उत्तर गोंयचे  खासदार श्रीपाद नाईक, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे ,पर्यटन मंत्री  रोहन खवटे, मये मतदारसंघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट , देवस्थानचे अध्यक्ष यशवंत माडकर आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.

--------------------------------------------

**DIP**

कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन मंत्रालयाच्या खाला पेन्शन आनी पेन्शनर कल्याण खातें 1 ते 30 नोव्हेंबर मेरेन देशभरांतल्या डिजिटल जीवन प्रमाणपत्र मोहीम 4.0 च्या चवथ्या टप्प्याची अंमलबजावणी करतले.ही मोहीम केंद्र सरकाराच्या डिजिटल इंडिया आनी जीवन सुलभतेच्या उद्दिश्टां प्रमाण तयार केल्या. ही मोहिम म्हणजे निवृत्ती वेतन धारकांच्या डिजिटल सक्षमी करणाखातीर राबयलो  एक महत्त्वाचो उपक्रम थारतलो.

--------------------------------------------

**Weather**

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडा चड तापमान 32 डिग्रीस celcius आनि उण्यांत उणे तापमान 22 डिग्रीस celcius इतले आसतले.

--------------------------------------------

**Chess**

गोयांत  चालू आशिल्ल्या फिडे बुध्दिबळ विश्वचषक सर्तींत भारतीय ग्रॅण्डमास्टर अर्जुन एरिगायसीन काल  काळ्यो घुलो घेवन खेळतना दोन फावटींचो वस्ताद लेव्होन आरोनियानाक हारोवन  क्वार्टर फायनलींत सुवात मेळयली. पेंटाला हरिकृष्णान पांचव्या राऊंडत जोसेफ मार्टीनेसा आड आपलो दुसरो क्लासिकल खेळ ड्रॉ केलो. आज टाय ब्रेकर खेळ  जातले.

-----------------------------------------------